गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक ‘सी’,1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 5 वर्स 2020**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 26-06-2020 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, “सुचोवण्यांत” नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

1. बालरोग शस्त्रक्रियेंत व्याख्यातो (Lecturer in Paediatric Surgery) .... 2 पदां

**वेतन श्रेणी**: रू. 15,600- 39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय - 45 वर्सां परस उणी**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13(3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवेची पात्रताय मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत वरिश्ठ निवासी दोतोर/ निबंधक/ अनुशिक्षक (Tutor)/ निदर्शक (Demonstrator) म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

## II. भलायकी सेवा संचालनालय

2. वरिश्ठ श्वास छाती चिकित्सक (Senior Respiratory Chest Physician) ...... 1 पदां

वेतन श्रेणी: रू. 15,600-39,100+ 5400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) पिराय - 45 वर्सां परस उणी

शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः

आवश्यक: (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) मान्यताय प्राप्त संस्थेंतल्यान बारीक जोर (टी.बी.) आनी छाती दुयेंसांत पदव्युत्तर पदवी. (iii) पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकीच्या पदाचेर 3 वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक - मराठीचें गिन्यान.

## III. उच्च शिक्षण संचालनालय

**3. सरकारी महाविद्यालयांत सहाय्यक प्राध्यापक :( Assistant Professor in Government College in):**

**(i) संगणक शास्त्र (Computer Science)* ....... 1 पद (हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

**(ii) हिन्दी (Hindi) * ....... 2 पदां**

**(iii) राज्यशास्त्र (Political Science) * ........ 4 पदां (2 पदां हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

**(iv) रसायनशास्त्र (भौतीक) Chemistry (Physical) *........** 1पद

**(v) रसायनशास्त्र (सेंद्रीय) Chemistry (Organic) ***........ 2 पदां

**(vi) रसायनशास्त्र (असेंद्रीय) Chemistry (Inorganic) * ........ 2 पदां**

**(vii) वाणिज्य (commerce) ***.........6 पदां (**1** पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत आनी 1 पद अनुसुचीत जाती खातीर आरक्षीत)

**(viii) गणीत (Mathematics) ***........ 4 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)

**(ix) प्राणीशास्त्र (Zoology) *** ................... 2 पदां

**(x) अर्थशास्त्र (Economics) *......** 4 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)

**(xi) इंग्लीश (English) *** ....... 3 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)

(xii) भुगर्भशास्त्र (Geology) *...... 2 पदां

(xiii) वनस्पतशास्त्र (Botany) *.......... 4 पद (1 पद अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत)

(xiv) कोंकणी (Konkani) * ................ 2 पदां

(xv) मराठी (Marathi) *......... 2 पदां
(xvi) इतिहास (History) * ........... 1 पद

(xvii) भुगोल (Geography) *.......... 1 पद

(xviii) समाजशास्त्र (Sociology) *................. 1 पद
(xix) भौतिक शास्त्र (Physics) *...................1 पद

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) पिराय- 45 वर्सां परस उणी

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) पदवुत्तर पदवी पांवड्यार बऱ्या शिक्षणीक वावरा सयत संबंदीत विशयांत 55% गूण वा तत्सम श्रेणींत भारतीय विद्यापिठांतल्यान वा विदेशी विद्यापिठांल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापकाचे नेमणुकी खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (NET)/ राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (SET) सक्तीची आसतली तथापी, विद्यापीठ अनुदान आयोग नियमन 2009 चे मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया) पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक, महाविद्यालयांत तत्सम स्थान वा सहाय्यक प्राध्यापकाची नेमणूक आनी भरती खातीर NET/ SET ची किमान पात्रताय अटीचे आवयश्यकतायेची सूट दितले. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिकः (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा ऍम.फील (ii)मराठीचें गिन्यान.

टिप: फुली (*) घालून खुणा केल्लीं पदां हीं जायरात क्रमांक 2, वर्स 2020 जायरातींत प्रसिद्ध केल्ल्या पदांचे अतिरिक्त आसात. ह्या अतिरिक्त पदां खातीर पात्र आशिल्ल्या सगळया उमेदवारांनी अर्ज करचो असो सल्लो आयोगान दिला, तशेंच ज्या उमेदवारांनी जायरात 2, वर्स 2020 त अर्ज केल्लो तांणी परतून अर्ज करपाची गरज ना, पूण तांकां:-

(अ) जरी अतिरिक्त योग्यताय जोडपाची आसल्यार, वा
(ब) जायरात 2, वर्स 2020 संबंदान जांणी अर्ज केल्लो आनी जांकां आतां वेगळे श्रेणींत अर्ज करपाचो आसल्यार,
उमेदवारांक जाय अशें दिसल्यार, तांणी हे जायराती संबंदान परतून अर्ज भरूं येता.